**आकाशवाणी पणजेच्या**

**प्रादेशिक खबरा**

Panaji Regional

Date: 31/08/**2026** **7**:**20** PM

**मुखेल खबरो.**

- गोंयातल्या डायोसेशन सोसायटीच्या शिक्षक आनी हेर शालेय कर्मचाऱ्यांचो थकलेलो पगार दोन दिसांनी सोडोवपाची सरकारची तयारी आसा, अशें आस्वासन मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सोमारा सभाघरात दिला
- नेपाळ हुंवारात मरण आयिल्ल्या मनशांक आयज गोंय विधानसभेच्या सभासदानी आर्गा ओपली.
- गोंयांत मराठी भाशेक राजभाशेचो दर्जो दिवचो अशी मागणी करीत मराठी राजभाशा निर्धार समितीन सोमारा विधानसभा अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा पणजेत आंदोलन केले.

139 RASHMI

गोंयातल्या डायोसेशन सोसायटीच्या एकशे एकोणचाळीस शाळांतल्या पाचशे अठ्ठावन्न शिक्षक आनी शाळातल्या हेर कर्मचाऱ्यांचो थकलेलो पगार दोन दिसांनी सोडोवपाची सरकारची तयारी आसा, अशें आस्वासन मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सोमारा सभाघरात दिला. संबंदीत शाळांच्या नेमणूक पत्रांचेर स्थानिक डायोसेसन व्यवस्थापनाचे अध्यक्षान संय केल्यार थकीत पगार दिवपाक सहज शक्य आसा अशे मुख्यमंत्र्यांनी स्पष्ट केलें. ह्या प्रकरणाचो विषय सध्या सर्वोच्च न्यायालयांत विचाराधीन आसा, अशी माहिती तांणी दिली. गोवा फॉरवर्ड पक्षाचे आमदार विजय सरदेसाई हांणी विधानसभा सभेंत ह्या प्रलंबित पगारांचो मुद्दो उपस्थित केलो. मजगती, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी न्यायालयान स्पष्ट आदेश दिल्लो आसतना सरकार तांचें पालन करिना, असो आरोप केलो. हे शिवाय वेगवेगळ्या सरकारी , तशेंच अनुदानित शाळांनी फाटल्या साबार वर्सासांवन कंत्राटी पद्दतीचेर काम करपी शिक्षकांक सेवेत कायम करचे, तशेंच तांच्या पगारात लेगीत वाढ करची अशी मागणी लक्षवेधी सुचनेवेळार विजय सरदेसाय हांणी केला. तांच्या ह्या मागणेक विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आनी आमदार कार्लुस फेरेरा हांणी तेको दिलो

RASHMI 88

नेपाळ हुंवारात मरण आयिल्ल्या मनशांक आयज गोंय विधानसभेच्या सभासदानी आर्गा ओपली. गोंयांतुय नेपाळचे नागरीक कामा निमतान राबीतो करतात, खास करुन लोजिस्टीक, सेक्युरीटी तशेंच हेर मळार नेपाळचे नागरीक काम करतात. शेजारी राज्य म्हण गोंय विधानसभा नेपाळच्या ह्या दुख्खांत वाटेकार आसात अशे गोंय विधानसभेचे सभापती गणेश गांवकार हांणी म्हणला. शोक प्रस्वावेळार सभापतीनी हो उल्लेख केला. तशेंच नेपाळच्या ह्या स्थितीन गोंय सरकारान, तशेच कोरपरेट कंपनीनी, तशेचं गोंयच्या नागरीकांनी आपापल्या परीन नेपाळच्या नागरीकांक मजत करचे अशे आवाहन हे वेळार सभापती गणेश गांवकार हांणी केला.

गोंयात फाटल्या 10 वर्सात 10 फारपेटाची प्रकरणा घडल्यात,जाल्यार हालीच पवरे मेजेस्टीक कॅसिनो सामकार एका उद्देजकाचेर फारपेट जाला. हाका लागुन गोंयचो कायदो आनी सुवेवस्था पेड्यार जाला, अशे विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हाडुन दीले.

ह्या वेळार गृहमंत्री आनी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी फारपेट प्रकरण गोंय पुलिशेच्या क्रायम ब्रांचीकडे दीला अशे म्हणला. गोयचो कायदो आनी सुवेवस्था पेड्यार करपी गुन्ह्यावकाराचेर कडक कारवाय करतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्र्यांनी दिला.

Rashmi
केळशी वाठारात १५ सुवातीचेंर बेकायदेशीरपणा बांधकामा चलल्यात असो आरोप बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणी केला. ह्या वाठारांनी बेकायदेशीर बांधकामा, घाणयारे उदक साळ न्हंयेत सोडप, खारफुटींची कत्तल, रेवेचे दोगोरं कातरप, शेतकी जमनीत मीठागरा बांधप, जमनी पुरवप, तशेंच माड कातरपाची प्रकरणा चल्यात अशे ताणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. हाका लागुन नगर नियोजन नेमांचे तशेंच पर्यावरण नेमांचे उल्लघन जाला असो आरोप ताणी केला. बेकायदेशीरपणान ह्या १५ वाठारांची पर्यावरण खाते, तशेंच हेर संबंधित कारवाय करपी लागपी खात्यावरवी पळोवणी जावची, आनी पळोवणेचो अहवाल सभाघराच्या पटलाचेर फुडल्या विधानसभेत दवरचो अशी मागणी वेन्झी विएगश हांणी केला.

Rashmi 154
गोंय उद्देगिक वसणुकेच्या भुखंड वाटपात भ्रश्टाचार आसा असो आरोप फार्तोडाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी आयज सभाघरात शुन्य वरावेळार केलो. आयडीसीन उद्देगांक उर्बा दिवपाखातीर जी सुसुटीतपणाची प्रक्रिया चालीक लायली , ताका लागुन सराकराक ६१ कोटी रुपयाचे लुकसाण जाला असो आरोप विजय सरेदसाय हांणी केला.

इतलेमजगती उद्देगीक मंत्री मविन गुदिन्हो हांणी हे आरोप न्हंयकारल्यात.

हे वेळार विजय सरदेसाय हांणी ह्या प्रकरणाची खोलायेन चौकशी करपाखातीर सभाघर समिती स्थापन करपाची मागणी केल्ली. आयडीसीतले प्लोटांचे वाटप आयडीसीच्या स्कोरींग मेट्रीक्साप्रमाण पारदर्शक पध्दतीन केला, ताका लागुन भुखंड वाटपाची प्रक्रिया पारदर्शक आशिल्यान सभागर समितीची गरज ना म्हण ही मागणी न्हयकारल्या.

Rashmi 164
No development area आनी No development Zone वाठारात बांधकामा येतात, फाटल्या 3 वर्सात अशे कीतले वाठारात बांधकामा अयल्यात ताची म्हायती दीवची, ह्या गेल्या विधाननसभेत विचारील्ल्या प्रस्नाक ह्या अधिवेशनात जाप दींवक नाशील्ल्यान विरोधकांनी सभाघरात बोवाळ घालीत सभापतीच्या हौदामुखार वचुन निशेध केलो. इतलेमजगती संबंधीत प्रकरण न्यायप्रविश्ट आशील्ल्यान म्हायती दींवक शकना म्हण सभापती गणेश गांवकर हांणी हो प्रस्न न्हयकारलो. सरकार NDA आनी NDZ वीशी गंभीर ना असो आरोप करीत विरोधकांनी "दीवचे ना रे दीवचे ना ,गोंय विकपाक दीवचे ना ",अश्यो घोशणा दील्यो. हे वीशी अधिवेशनाच्या पयल्याच दीसा विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी (point of order) म्हणुन हरकत घेंवन सभाघरात हो प्रस्न मांडील्लो. हे वीशयावेल्यान सभाघराचे काम 20 मिनटा अडकुन उरले उपरांत सभापती गणेश गांवकार हांणी सभाघराचे कामकाज 10 मिनटीखातीर स्थगीत केले.

**135** rashmi
गोंयांत मराठी भाशेक राजभाशेचो दर्जो दिवचो अशी मागणी करीत मराठी राजभाशा निर्धार समितीन सोमारा विधानसभा अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा पणजेत आंदोलन केले. ह्या आंदोलनांत व्हड संख्येन मराठीप्रेमीनी वाटो घेतिल्लो.आंदोलकांचो मोर्चो मांडवी पुला लागीं पोलिसांनी आडयल्यान कांय वेळ वातावरण तणावपूर्ण जालें. मराठीक गोंयची राजभाशा म्हणून मान्यताय दिवची, अशी मागणी करीत आंदोलकांनी घोषणाबाजी केली. हातांत जायते फलक आनी भगवे झेंडे घेवन आंदोलक रस्त्यार देविल्ले. ताचे उपरांत सुभाश वेलिंगकार हांच्या अध्यक्षतायेखाला समितीच्या पाच सदस्यिय शिष्टमंडळान पर्वरे मंत्रालयात मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे वांगडा बसका घेतली आनी मराठीक राजभाशेचो दर्जो दिवपाची मागणी करपी निवेदन सादर केलें. मुखेलमंत्र्यानी ह्या

मागणीविंशी सरकार विचार करतलें, अशें आस्वासन दिल्याचें वेलिंगकार हांणी सांगलें. मात वेंचणुकी पयलीं मराठीक राजभाशेचो दर्जो दिवंक सरकाराक अपेस आयले जाल्यार, फुडल्या वेंचणुकीत मराठीप्रेमींक वेगळी भूमिका घेवची पडटली, अशी शिटकावणी वेलिंगकार हांणी हेवेळार दिला.

**हवामान २५**

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेदशाळेन दिल्ल्या अदमासाप्रमाण फुडले पांच दिस राज्यांतल्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांत हलक्या ते मध्यम प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

**फावट काय मुखेल खबरो.**

- गोंयातल्या डायोसेशन सोसायटीच्या शिक्षक आनी हेर शालेय कर्मचाऱ्यांचो थकलेलो पगार दोन दिसांनी सोडोवपाची सरकारची तयारी आसा, अशें आस्वासन मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सोमारा सभाघरात दिला
- नेपाळ हुंवारात मरण आयिल्ल्या मनशांक आयज गोंय विधानसभेच्या सभासदानी आर्गां ओपली.
- गोंयांत मराठी भाशेक राजभाशेचो दर्जो दिवचो अशी मागणी करीत मराठी राजभाशा निर्धार समितीन सोमारा विधानसभा अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा पणजेत आंदोलन केले.